Dream Dare Win www.jeywin.com

15 CS (MAIN) EXAM, 2010

A-DTN-K-JM-9

# KONKANI

## (Compulsory)

*Time Allowed : Three Hours* | *Maximum Marks : 300*

***INSTRUCTIONS***

***Candidates should attempt ALL questions.***

***The number of marks carried by each question is indicated at the end of the question.***

***Answers must be written in Konkani (Devanagari Script) unless otherwise directed.***

***In the case of Question No. 3, marks will be deducted if the précis is much longer or shorter than the prescribed length.***

1. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय ***एका*** विशयाचेर सुमार 300 (तीनशीं) उतरांनी निबंद बरयात. *100*

   (i) कायद्यान 'सन्मान हत्या' थाबोवंक येत व्हय ?

   (ii) भेसळ केल्ल्या खाणां-जेवणावखीं जावपी उपद्रव.

   (iii) अंधविश्वासा आड बुद्धिवाद.

   (iv) शिक्षण आनी समाजीक बदल.

   (v) 'म्हायती अधिकाराचो कायदो' नितळ आनी न्यायपूर्ण प्रशासन दिवपाक लांकत व्हय ?



www.jeywin.com Dream Dare Win

Dream Dare Win www.jeywin.com

2. सकयल दिल्लो उतारो जतनायेन वाचात आनी ताचेसंबंदान विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात. *10×6=60*

सौर ऊर्जा म्हळ्यार पोरण्या इंधनाचेर निंबून रावपाची आमची गरज उणावपाचो खात्रीचो मार्ग, जो पुरायपणान ऊर्जेच्या नूतनीकरणाचो वांटो जावन आसा. पोरण्या चालीचें इंधन कांय काळाउप्रांत उणें जातकच म्हारग जावपाक लागतलें. अशा वेळार सौर ऊर्जेचो वापर आमचे धर्तरिवेल्या पर्यावरणाचें संतुळन राखपी आनी 'पांचव्या घरांचो' (Greenhouse) उणो जावपी परिणाम राखपी चावी म्हळ्यार जाता. आजून मेरेन सौर ऊर्जेच्या उपकारक गुणांच्या वापराबगर, हेर तरेच्या मळार तिचो उपेग व्यापकतायेन जावंक ना, तशेंच पोरण्या पद्धतीच्या इंधनाक पर्याय म्हुण तिका कोणे आपणावंक ना, कित्याक तर हेर पर्यायांपरस तिचें आशिल्लें म्हारगें तंत्रगिन्यान. आतां ह्या तंत्रगिन्यानांत सुमाराभायली सुधारणा जायत आसा. तिच्या खर्चाचे दर उणे करपाचे यत्न चालूच आसात आनी ल्हवू ल्हवू जायना पुण निश्चितायेन एक वेव्हारी पर्याय म्हुण सौर ऊर्जेचो वापर जांवचो हाचे विशींचे यत्न चालूच आसात. 'जवाहरलाल नेहरू राष्ट्रीय मिशन' ही येवजण म्हळ्यार नितळ ऊर्जा स्त्रोत मेळोवपा संबंदान घातिल्लें एक आशावादी पावल म्हळ्यार जाता.

सौर ऊर्जा मळ रोजगार-मेळोवपाची आस्त दाखयता. ह्या मळार सोद आनी तंत्रगिन्यानांत व्हडा प्रमाणांत नवे नवे प्रयोग जातात आनी उंचल्या पांवड्या वेलें विशिश्ट शिक्षण घेतलल्यांक रोजगाराचे संधीच्यो दिका दाखयता.



www.jeywin.com Dream Dare Win

भारत देस बिजली (विद्युत्) उत्पादनांत सळ्या सुवातेवेलो देस आसूनय आमच्या देसांत बिजलीच्या उणावाचें व्हड संकश्ट आसा. ह्या संकश्टाचेर आमकां सौर ऊर्जेन उपाय-येवजण करूं येता. ती पुरायेन परिस्थितीप्रमाण तंत्रीक संगठण करतली आनी सौर ऊर्जेच्या उत्पादन मळाची मागणी वाडयतली. अभियांत्रिकी तंत्रविज्ञान आनी ऊर्जायंत्र थापणूक ह्या सौर विज्ञानाच्या मळांवेल्या पदांक आयज चडांत चड मागणी आसा. हो उद्योग उदरगतीक हाडपाक जाय जाल्यार आमकां नवी कुशळताय आपणावपाची पडतली, तशेंच उत्पादनाचो उणो खर्च, ताच्या व्यापाराची उणी दर आनी उत्पादनाच्या दरांचें संतुळन दवरपाची गरज आसा.

(i) पोरण्या इंधनाचेर निंबून रावपाची वृत्ती आमीं उणी कित्याक करपाक जाय ?

(ii) 'सौर ऊर्जे'च्या वापराचे कसले फायदे आसात ?

(iii) 'सौर ऊर्जे'चो उपेग आजूनमेरेन लोकांमोगाळ कित्याक जावंक ना ?

(iv) 'सौर ऊर्जेक' भौसाच्या आवाक्यांत हाडपाखातीर कसले उपाय येवजूं येतात ?

(v) तरणाटे पिळगेखातीर उंचल्या पांवड्यावेल्या पदांची निर्मणी 'सौर ऊर्जे'च्या मळार कशेरीतीन जावं येता ?

(vi) 'सौर ऊर्जा' कशेरीतीन सवाय करूं येत ?

3. तुमकां दिल्ल्या वेगळ्या कागदाचेर सकयल दिल्ल्या उताऱ्याचो आपरोस बरयात. उताऱ्याचे लांबायेच्या मानान आपरोसाची लांबाय एक तृतियांश आसची. उताऱ्याक माथाळो दिवपाची गरज ना. थारायिल्ले लांबायेपरस आपरोस चड लांब वा मोटवो जाल्यार गुण उणे जातले. आपरोस बरयिल्ले कागद मूळ उत्तर-पत्रिके भितर बरे घट आनी वेवस्थित बांदचे. 60

जर कलेची दर विशेशताय, प्रत्येक युगाक अभिव्यक्त करप ही आसा जाल्यार तिका निश्चितच आदल्या युगाच्यो सीमो-मेरो तोडून आनी पोरण्या काल्पनिक तशेंच मानसिक धारणेच्या आंवाठांतल्यान भायर सरचें पडतलें. जीण म्हळ्यार एक व्हांवती. क्रांतीच्या वेळार तिच्यांत खूब वेगान आनी तीव्रतायेन पुरायेन बदल जातात. अशा वेळार समाजाच्यो गरजो फुडारलेल्या सांस्कृतिक प्रवृत्तींचेर चेपण हाडपी थारतात — एके वटेन पोरणी मुळां सदळ करपाच्या गजालींत पोरण्या समजांमदें आनी विचारांमदें संघर्श रुजयता. पोरण्या संस्कृतायेचो पांखो घेवपी तिचे समर्थक नव्या बदलाक भियेवन परिस्थिती आसा तशीच उरची म्हुण जीव तोडून यत्न करतात. ते आपणांक नीतीकतायेची मूल्यां राखपी आनी संस्कृतायेचे राखणदार मानतात, आनी येवपी प्रत्येक नव्या विचार प्रवाहाक धांवडावन घालतात. जाल्यार बदलाचो पांखो घेवपी आपूण पोरणी तत्वां आनी नेमांक पाळो दिनात अशें मानीनात. समाजीक बदलाचो प्रत्येक अंश एके सांस्कृतिक संरचनेची मागणी करता; आदल्या युगान जशें दाखयल्लें तशें आपणाल्यो गरजो आपुणच दाखोवन दिता. ती आतां नव्या तांकीचो आनी नव्या तंत्रगिन्यानाचो उपेग करूंक तांकना आनी आपणाल्या वस्तुधारणेंत नवे आदर्श पडबिंबित करूंक शकना. ह्या संदर्भांत पोरण्या संस्कृतायेचे समर्थक असांस्कृतिक आनी क्रूरतायेच्यो पद्धती आपणायतात, जांच्यो

तांणीच एकेकाळार उपेक्षा आनी बकच्छायो केल्ल्यो. जेन्ना खंयचीय शक्त प्रगतीशीळ उरना तेन्ना तिचें दमन करचें पडटा. नवो समाजच संस्कृताय आनी गिन्यानाच्या दर मळार कळावंताच्या पुराय विकासाच्यो संदी उपलब्ध करुन दिवंक शकता.

आयजच्या अव्यवस्थित समाजाक लागून जीणेचें संश्लेशण मोडून गेला. दर एकल्या मळावेली घडणूक दुसऱ्या मळासावन पैसावन एकोडी पडल्या. तत्त्वचिंतक विज्ञानिकासावन एकोडो पडला जाल्यार कलाकार तंत्रगिन्यानिकासावन. तशें जण एकलो आनी साबार जणय ह्या वेगळांवनजो अशा व्यापक जीणेच्या स्पंदनशील जाळांतय एकोडेच पडल्यात जेन्ना हातूतलो दर एकलो एके संतुळेक, सोबीतायेक आनी पूर्ततायेक जोडपी घटक जावन आसा. देखीक आतां यंत्राकयबी रूढ गणिताच्या आडव्या उब्या रेगट्यांच्या आनी आंकड्यांच्या जंजाळांत घुसपून, घुसमटल्ली हवा आनी धुंवराची निर्मणी करपी, भावनाविरयत तटस्थ अशें यंत्र मानीनात. जाल्यार ताकाय बी पांयां पोंदच्या धर्तरिप्रमाण आनी माथ्यावेल्या व्यापक मळबाप्रमाण अपरिहार्यतेन स्वीकारनात जशें पुराणकथांत कुशळताय आनी जीवेपण म्हुण नायकाच्या वीरत्वाचो स्वीकार करतालेत. आयज यंत्र म्हळ्यार मनशाच्या कुडीचेच विस्तारीत आंग जालां. ते सांगतात की मनशान सैमाचेर आपणालो शेक चलयला, ह्या तत्त्वाचेर ताच्या जैताच्या पराक्रमाची काणी जाल्या. हें झुज मनशाइतलेंच पोरणें आसा. हो संघर्श सौन्दर्यपूर्ण, लयबद्ध, संगीतमय आनी रंगयाळो आसा.

Dream Dare Win www.jeywin.com

मनशान, ज्या यंत्राक निर्मिलां, ताणेंच घडयलां आनी जाकातोच ना नपश्यात करूंक शकता त्या यंत्राक जर आपणाल्या उणाकपणाकलागून मनशांचेर शेक गाजोवपाक दिलो जाल्यार तो यंत्राचो दोश जांवचो ना. दुसऱ्याक निंदपाची मनशाची संवय ताकाच भुजता. रेडिओ म्हळ्यार मनशांच्या पुलमावांचो विस्तार जाल्यार टेलिफोन म्हळ्यार कानांचो. विमानांत बसून रखडत चलपी खटाऱ्या गाडीच्यो (बैलगाडीच्यो) लत्तुबायो गावप म्हळ्यार काव्यन्याय दिवप न्हय. ही तर निखळ रूढीग्रस्त सांप्रदायिकताय. एके काळार बैलाचें जोत म्हळ्यार क्रांतिकारी सोद आशिलयो जसो आयजच्या काळांत ट्रैक्टराचो सोद. नवी नवी आवतां घडोवपाचे मनशाचे उन्मेशशाली प्रतिभेची उवेखणी करप म्हळ्यार समाजांतल्या बदलांच्या नीती-नेमांची उपेक्षा करप. अशे तरेची उपेक्षा सोसपाक खंयचोच हाडाचो कलाकार तयार जांवचो ना. "एक कलाकार निर्मणी करता ती जैविक प्रयोजनासारकी आसता' अशें मॅक्सिकोचे सुविख्यात कलाकार रिवेरा दियागो हांचें म्हणणें आसा. ते म्हणटात' जसो एखाद्रो रुख फूल आनी फळ निर्मता; पुण वर्सयभर सकयल मळून पडिल्ल्या पानांविशीं खंत, विळाप करीना कित्याक तर तो जाणा की नव्या ऋतूंत ताका पर्थून पानां आनी फुलां येतली. तो फळं दितलो." कलेन निखटें कितें आसा हें चित्रावपाचें नासता जाल्यार कितें जातलें हेंय चित्रावपाचें आसता. निर्शेवणीं दिवपी पराभवाचें आनी विस्कटिल्ल्या आस्तेचें चित्रण करचे बदला, बदल घडोवन हाडपी शक्यतायांचें चित्रणतिका करपाचें आसता.



www.jeywin.com Dream Dare Win

4. सकयल दिल्लो उतारो कोंकणीत अणकारित करात. 20

The world does not need extraordinarily talented people. It does not need highly skilled people either. It has plenty of super-intelligent people. We need ordinary people with extraordinary motivation. M.K. Gandhi was an ordinary man with amazing motivation to establish truth and justice. The Wright brothers were ordinary people with a dream of flying.

You can also achieve exceptional results if you are inspired with a higher ideal. Replacing 'inspiration' with 'information' has led to knowledge being viewed as drudgery rather than as pleasure. Education has degenerated to data being transmitted from the teacher to the taught without igniting the minds of the young with a higher purpose.

How many of us wake up inspired, looking forward to a day of service ? Who among us finds exhilaration in contributing to society ? Life changes magically from boredom to excitement when you are inspired to serve. You redefine norms and achieve the impossible, paving the way to outstanding success. You find happiness at work, not in escaping from it. Most importantly, you evolve spiritually and attain Godhood.

Inspiration gives ordinary people the courage and hope to make life better for themselves and for posterity. Find inspiration and life will transform into an exciting adventure of self-discovery.

5. सकला दिल्ल्या कोंकणी उताऱ्याचो इंग्लेजींत अणकार करात. 20

आयज विज्ञानाच्या समाजीक बांदिलके विशीं उलयतना हांव ह्या गजालीं विशींय उलयतलो ज्यो तरणे पिळगेक समजूंक सामवयो सोप्यो दिसतात पुण जाणटे पिरायेच्या लोकांक समजूपाक कठीण दिसतात. हाचें कारण अशें की, तरणाट्यांकडेन एक गूण आसा जो गूण कांय वर्सांउप्रांत ना जावन वता. तो गुण म्हळ्यार कल्पनाशक्त. कल्पनाशक्त हो गूण असो आसा जो विज्ञानाचें वेगळावनजो अशें आंग जावन आसा. आनी सैमिकपणान तो तरणाट्यांकच मेळिल्लो आसता. दुखाची गजाल अशी की वाडटे पिरायेसांगातान हो गूण सुकून वता. तरीकय हो गूण असो आसा की जाची गरज अख्ख्या संवसाराक व्हडा प्रमाणान आसा.

फाटल्या तीन शतमानांसावन विज्ञानांतल्या सोद आनी संशोधनांनी समाजाचेर आपलो प्रभाव घाला. पुण सामान्यतायेन आमच्या अख्ख्या संवसाराक तांणीं कशे तरेन प्रभावित केलां हें लोकांक कळना. लोकांनी हाची पर्वाय करूंक ना. न्यूटनाच्या काळासावन लोकांक समजून आयलां की, तंत्रगिन्यान हें विज्ञानातल्या सोदांचेर निंबून आसा. जाका लागून खूब सुशेग आनी लाव मेळटात. विज्ञानाच्या सहयोगान तयार जावपी वखदांक लागून जीणेची कितलीशीच वर्सां जियेवंक येतात हें लोकांक तेन्नाच कळपाक लागलें.

लिओनार्दो विन्चिच्या काळासावन लोकांनी मानून घेतलें की विज्ञानाच्या आदारान झुजात जैत मेळोवंक येता. जशीं जशीं वर्सां गेलीं तसो तसो एक तंत्रिक भौतिकवाद वाडीक लागलो. नव्या तंत्रगिन्यानाची मागणी अदिक अदिक वेगान जावपाक लागली, तशें चडांत-चड लोक विज्ञानिक आनी तंत्रज्ञ जावपाक लागले.

6. (अ) सकयल दिल्ल्या म्हणींतल्या खंयच्याय ***पाचांचो (5)*** अर्थ बरयात. *2×5=10*

(i) तेल जळटा देवळाचें, भटान कित्याक जळचें ?

(ii) एका पाडयान जोत चलना.

(iii) साठी बुद्धी नाठी.

(iv) घरमोगऱ्याक परमळ ना.

(v) पड्टा तो शिकता.

(vi) कणयो उडोवन कोंबडो झुजयता.

(vii) कळंतरा आशे मुदल नाशें.

(viii) ताकय धवें, दूधय धवें.

(ix) भटो भटो आपल्यो वाटो.

(x) शेंवट्यापरस गाबोळी व्हड.

(ब) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय ***पांच (5)*** उतरांची समानार्थी उतरां बरयात. *1×5=5*

(i) दमदम.

(ii) लुगट.

(iii) दया.

(iv) संतोस.

(v) तवशें.

(vi) देंवती.

(vii) तिनकात्री.

(viii) आंगलें.

(ix) दुस्मान.

(x) प्रीत.

(क) सकयल दिल्ल्यो खंयच्योय ***चार (4)*** जोड्यो घेवन तांचो तुमच्या वाक्यांनी असो उपेग करात की. तांच्यामदलें अर्थांतर स्पश्ट जातलें. *3×4=12*

(i) झाड – झाड

(ii) वंय – मेर

(iii) हार – हार

(iv) घोळ – गोळ



www.jeywin.com Dream Dare Win

(v) देव – देंव

(vi) युक्ति – शक्ति

(vii) काप – काप

(viii) पाडो – पाडो

(ड) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय ***तीन* (3)** उतरांची विरोधार्थी उतरां बरयात. *1×3=3*

(i) निश्ठुर

(ii) राग

(iii) फोड

(iv) देव

(v) धनीण

(vi) भपको

(vii) मळब

(ज) सकयल दिल्ल्या वाक्प्रचारांमदल्या खंयच्याय ***पांच* (5)** वाक्प्रचारांचो अर्थ सांगून तांचो वाक्यांत उपेग करात. *2×5=10*

(i) उदक सोडप.

(ii) नळी काडप.

(iii) तोंडाक चावी लावप.

(iv) स्वास अंदप.

(v) वाचा वचप.

(vi) जीव खावप.

(vii) हात मारप.

(viii) वाट लावप.

(ix) कांकणां घालप.

(x) धंयार धुमको मारप.



www.jeywin.com Dream Dare Win